# सांस्कृतीक आनी युवा सृजन पुरस्कार जाहिर

ता. 5 जुलय 2017

14 आषाढ 1939

कला आनी संस्कृती संचालनालयान 2016-17 वर्साखातीरचे सांस्कृतीक आनी युवा सृजन पुरस्कार जाहिर केल्या.

राज्य सांस्कृतीक पुरस्काराखातीर श्री. प्रमोद प्रियोळकार, प्रियोळ फोंडा (भारतीय संगीत), श्री. एफ. जी. आल्वारो द पेरेरा, उतोर्डा साश्ट (वेस्टर्न संगीत), श्री. दासू शिरोडकर तरवळे-फोंडा(साहित्य), श्री. गजानन जोग-करंजाळे तिसवाडी (साहित्य), श्री. आवेक्लेतो आफोंस पणजी-तिसवाडी (साहित्य), श्री. गणेश मराठे, खोर्ली-तिसवाडी (नाट्य), श्रीमती मारिया फर्नांडिस सांगोल्डा (तियात्र), श्री. रोमाल्डो डिसौझा चिंचीणी (तियात्र), श्री. उदयबूवा फडके, मुळगाव (किर्तन), श्री. उमेश तारी ओल्ड-गोवा (भजन), श्री. राम माऊसकर नगरगाव लोककला आनी श्री. सदाशिव परब मयडें (ललित कला), हांची निवड जाल्या.

रोख रू. 1 लाख, प्रशस्तीपत्र, नटराजाची प्रतिमा आनी शॉल अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

कला आनी संस्कृतीच्या मळार उत्कृश्ट कार्य करपी संस्था म्हुण अंत्रुज लळीतक, बांदोडा फोंडा ह्या संस्थेची निवड जाल्या. हो पुरस्कार रोख रू. 3 लाख आनी मानचिन्ह स्वरूपात दितात.

युवा सृजन पुरस्काराखातीर श्री. मयुरेश वस्त, कुडचडे, (संगीत), श्री. दयाराम बी. पाडलोस्कर धारगळ (साहित्य), कु. जेसीका जे. गोम्स, कोलवा (तियात्र), कु. सुचेता नार्वेकर गावणे फोंडा (नाट्य), श्री. सचीन नाईक बांदोडा-फोंडा (चित्रकला) आनी श्री. चेतन व्ही. खेडेकर प्रियोळ फोंडा (लोककला), हांची निवड जाल्या.

मानचिंन्ह, प्रशस्तीपत्र आनी रोख रू. 25,000 अशे ह्या पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

पुरस्कार खात्यावतीन आयोजित करपात येवपी खास सुवाळ्यात भेटयतले.